आकाशवाणी, पणजी
प्रादेशीक खबरांपत्र
१८ जून, सांजे ७.२०
-------------------

मुखेल खबरो

गोंय आयज आपलो क्रांती दीस मनयलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी परां वीस तारखेक देशभरांतल्या शेतकामत्यां लागीं संवाद सादतले.

गोंय आनी हवाय वांगडा वेगवेगळ्या मळाचेर सहकार्य करपा विशींच्या कबलातीच्या मसुद्याक गोंय मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या. अशें मुखेलमंत्री मनोहर पर्रीकार हांणी सांगलां.

गोंयांत मॉन्सून पावस आयज सावन सक्रीय
---------------------------------
---------------------------------

क्रांती दिसा निमतान आयज गोंयांत तरेकवार कार्यावळी जाल्यो. १८ जून १९४६ ह्या दिसा डॉ. राममनोहर लोहिया हांणी मडगांवां घेतिल्ले भौशीक सभेंत गोंयकारांक पुर्तुगीज सत्तेसावन गोंय मुक्त करपाचो उलो मारिल्लो. त्या दिसा सावन गोंय मुक्तीची चळवळ वाडत गेली आनी कालांतरान १९ डिसेंबर १९६१ वर्सा गोंय मुक्त जालें.
राज्य पांवड्यावयली मुखेल कार्यावळ आयज पणजेंत आझाद मैदानाचेर जाली. गोंयची राज्यपाल डॉ. मृदुला सिन्हा आनी मुखेलमंत्री मनोहर पर्रीकार हांणी हुतात्मा स्मारका कडेन स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां

ओंपलीं. गोंय मुक्त करपा खातीर आनी प्रगतीपथाचेर मुखार व्हरपा खातीर स्वातं□य सैनिकांनी जो त्याग केलो ती कथा आयच्या तरणाट्यांनी जाणून घेवन स्फुर्त घेवंक जाय अशें राज्यपाक सिन्हा हांणी सांगलें.

निवळसाणीच्यो कार्यावळी तशेंच जाण्टे आनी बायलो हांचे खातीर राज्यांत ज्यो येवजण्यो चलयल्यात तीं डॉ. लोहिया आनी गोंय मुक्ती चळवळींतल्या हुतात्म्यांक खरीं आर्गां आसात अशें राज्यपालांनी सांगलें.

गोंय राज्य प्लास्टिक मुक्त करपा खातीर सरकाराचे यत्न चल्ल्यात. ताका नागरिकांचो तेंको जाय अशें आवाहन मुखेलमंत्री पर्रीकार हांणी केलें.

उदरगतीच्यो वेगवेगळ्यो मोखी साद्य करपा खातीर गिन्यानाची क्रांती घडोवन हाडूंक जाय अशें आवाहन मुखेलमंत्र्यांनी केलें.

दक्षिण गोंयची मुखेल कार्यावळ मडगांवां लोहिया मैदानाचेर जाली. ह्या वेळार

----------------------

राज्यांतल्या मळार उदरगत सादपा खातीर वावर करपाची गरज आसा अशें भौशीक बांदकाम मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी म्हणलें.

गोंय क्रांती दिसा निमतान फोंडेंच्या क्रांती मैदानाचेर आयज सकाळीं जाल्ले कार्यावळींत तांणी स्वातंत्र्यसैनिकांक आर्गां ओंपलीं. ह्या वेळार फोंडेंचे आमदार रवी नायक, खासदार नरेंद्र सावयकार, फोंडेंचे नगराध्यक्ष प्रदीप नायक, आदले आमदार आनी स्वातंत्र्यसैनिक रोहिदास नायक, उपजिल्होधिकारी विशाल कुंडयकार, पुलीस उपअधिक्षक महेश गांवकार हेर सरकारी अधिकारी आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले

फाटल्या सात दशकां आदीं गोंयांतल्यान नाल्ल निर्यात जातालो आनी तांदळाचेंय पीक बरे तरेन येतालें. मात आतां परिस्थिती बदल्ल्या आनी

हीच उत्पादनां आतां आयात करपाक पडपाक लागल्यात अशें मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी म्हणलें.
गोंयांत शेती वेवसाय आदीं जे तरेन जातालो, तेच तरेन आतां परत करपाची गरज तांणी उकतायली. गोंयचें सरकार उदरगत सादत आसा अशें तांणी मुखार म्हणलें.

-------------------------

शिक्षणीक सुविधा म्हणल्यार नवे पिळगे खातीर भरीव तजवीज आसा अशें आयुश मंत्री श्रीपाद नायक हांणी म्हणलां. विद्यार्थ्यांनी बरे तरेन शिकचें आनी तांकां गरज आशिल्ल्यो सुविधा दिवपाचें काम आमचें अशेंय तांणी सांगलें. ते आयज भाटी वाठारांतल्या फेरीलँड हायस्कुलांत एके कार्यावळींत उलयताले. खासदार निधींतल्यान तांणी हे शाळेक तीन संगणक, एक लॅपटॉप, एक छायांकन यंत्र तशेंच एक एलसीडी प्रोजेक्टर भेट दिलो. णव ते धा वर्सां फेरीलँड हायस्कुलान केल्ल्या प्रगतीची तांणी ह्या वेळार तुस्त केली. खासदार निधी हो लोकांच्या कल्याणा खातीर आसा आनी फाटल्या १९ वर्सांत चारूय कार्यकाळांत आपणें ४५ टक्के निधी शिक्षण मळार वापरला अशी माहिती नायक हांणी दिली.

------------------------

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी परां २० जूनाक सकाळीं ९.३० वरांचेर देशभरांतल्या शेतकामत्या लागीं संवाद सादतले. २०२२ मेरेन शेतकामत्यांचें उत्पन्न दुपेटीन कशें वाडोवं येता ह्या विशयाचेर तशेंच हेर म्हत्वाच्या विशयाचेर ते उलयतले. ह्या संवादाचें थेट प्रक्षेपण सामुदायीक सेवा केंद्र दूरदर्शन डी डी कीसान आनी आकाशवाणी वेल्यान जातलें. शेतकामत्यांक नरेंद्र मोदी एपावरवीं लेगीत थेट संवाद सादपाक मेळटलो.

-----------------------

गोंय सरकार आनी अमेरिकेंतलें हवाय राज्य हांचें मदीं वेगवेगळ्या मळांचेर सहकार्य सादपा विशींच्या कबलातीच्या मसुद्याक गोंय मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या. ही म्हायती मुखेलमंत्री मनोहर पर्रीकार हांणी आयज मंत्रीमंडळ बसके उपरांत पत्रकार परिशदेंत दिली. हे कबलातीचेर रोखडेच्योच सयो जावपाच्यो आसात अशें तांणी सांगलें. व्यापार, पर्यटन, खेळ, तंत्रगिन्यान, वखदां, सांस्कृतीक, पाककला आनी शिक्षण आदार प्रदान कार्यावळी, योग, आयुर्वेदीक आनी हवाय वाठारांतली पुरविल्ली मसाज पद्दत वखदी वनस्पत हवायची आनी गोंयची उत्पादनां आनी हस्तकला कुशळटाय उदरगत शेती आनी नुस्तेमारी कला आनी संस्कृती ह्या मळांचेर सहकार्य सादपा नदरेन तरेकवार कार्यावळी आसतल्यो.

-------------------------

काणकोणां गालजीबाग ते तळपण मार्ग तशेंच हेर मार्गाच्या कामाक गती दिवपाचें यत्न चलयल्यात अशें मुखेलमंत्री पर्रीकार हांणी सांगलें. खणकाम मुद्यांचोय अभ्यास चल्ला अशें तांणी सांगलें. राज्यांत बंदखणींत आशिल्ल्या कांय खूब जाणट्या आनी दुयेंत आशिल्ल्या तीग जाणांक उणीच ख्यास्त भोगल्या म्हूण आतां तांची सुटका करची हे खातीर राज्यपालांक विनंती करपाच्या प्रस्तावाक मंत्रीमंडळान मंजुरी दिल्या अशें मुखेलमंत्री पर्रीकार हांणी सांगलें. डॉ. अनुपमा बोरकार हांकां जीएसीच्या ऑनकॉलोजी म्हणल्यार कॅन्सर उपचार विभागांत सल्लागार म्हणून आपोवपाक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या अशें तांणी सांगलें. राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद ७ आनी ८ जुलयाक गोंय भेटेर येतले आनी तांची सविस्तर कार्यावळ निश्चीत जावपाची आसा अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. गोंय विधानसभेचे अधिवेशन १९ जुलयाक सुरू जातलें अशें तांणी सांगलें.

-------------------------

गोंयांत आयज मॉन्सून पावस सक्रीय जाला. आयज सकाळ सावन राज्यांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी उटंगाराच्या पावसाच्यो दाट दडको पडत आसात. ताका लागून तापमानांत थंडाय आयल्या. पावस सक्रीय जाल्ल्यान शेतकार आनी बागायतदार उमेदीन नेटान कामाक लागल्यात. शेतीची कामां सुरू जाल्या. पावसाळी फळां आनी भाजयो हांचीय लागवड करपाची कामां सुरू जाल्यांत. गोंयांत पावसाच्या मोसमांत तवशीं, घोसाळीं, दुदी तशेंच वेगवेगळ्या तरेच्या भाज्यांची लागवड जाता. मजगतीं फुडल्या २४ वरांत अशेच तरेन उटंगाराचो पावस पडपाचो अदमास वेधशाळेन उकतायला आनी गोंय तशेंच महाराष्ट्र दर्या देगे वयल्या नुस्तेमारांनी दर्यांत वचचें न्हय अशी शिटकावणी दिल्या.

--------------------------

वक्तशीरपण, निवळसाण आनी खाणजेवण सेवा हांचेर सरकारान भर दिला अशें रेल्वेमंत्री पियुष गोएल हांणी सांगलां. ते आयज नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयताले. वक्तशीरपणाच्या मुद्याचेर आपणें फाटल्या आठ दिसांक रेल्वेच्या कामगिरीचो नियाळ व्यक्तीगत पांवड्यार घेतला अशें रेल्वेमंत्री गोएल हांणी सांगलें. सुरक्षेच्या कामांक उंचेलें प्राधान्य दिलां अशें मंत्री गोएल हांणी सांगलें.

--------------------------

प्लास्टीक प्रदुशणा आड काणकोण तालुक्यांतल्या खोल पंचायतीन केल्ली जागृताय देखदिणी आसा अशें विरोधी पक्ष फुडारी चंद्रकांत कवळेंकार हांणी सांगलें. प्लास्टिकाचो वापर जाता तितलो उणो करपाची गरज तांणी उकतायली. गोल पंचायतीन खास ग्रामसभा आयोजीत केल्ली तातूंत ते उलयताले. प्लास्टीक मुक्त सैम ह्या विशयाचेर शालेय विद्यार्थ्यां खातीर चित्रकला सर्त घेतली. सरपंच पूर्णा नायक, जिल्लो पंचायत वांगडी शाणू वेळीप, उपसरपंच पंढरी प्रभुदेसाय, गटविकास अधिकारी भगवंत करमली आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.